०८.०९.२०२६ सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज गुजरात आणि महाराष्ट्राच्या भोवडेर आसात.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी काल गोंय पुलीशेक presidents Colour पुरस्कार' प्रदान केलो.

ह्या सुवाळ्यांन cyber fraud खातीर हेल्पलाईन आशिल्ल्या गोंय पुलीशेच्या AI voice assistant यंत्रणेचें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांचें हस्तुकी उक्तावण जालें.

लोकसभा आणि राज्य विधानसभांमदी बायलां खातीर ३३ टक्के आरक्षणाक लागुन बायलांच्या राजकीय फुडारा खातीर नवीन मार्ग उक्ते जातले अशे लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी म्हळां.

अहमदाबादात सुरु आशिल्ल्या संवसारीक तिरंदाजी पॅरा खेळा माळेत भारतीय पॅरा तिरंदाज आज चार भांगरापदकांच्या लढतींत वांटेकार जातले.

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज गुजरात आणि महाराष्ट्राच्या भोवडेर आसात. गुजरातात ते वडोदराच्यान ३५ हजार कोटी रुपयां परस अधिक किमतीच्या वेगवेगळ्या विकासकामांचे बुन्यादी फातर, उक्तावण आणि लोकार्पण करतले तशेच, 'वेस्टर्न डेडिकेटेड फ्रेट कॉरिडॉर' (WDFC) या प्रकल्पाचे काम पुराय जाल्या निमतान ते या मार्गा वेले तीन महत्त्वाचे विभाग राष्ट्राक समर्पित करतले. अहमदाबाद विमानतळार प्रसारमाध्यमांकडे उलयताना केंद्रीय मंत्री

अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले की, हो महाप्रकल्प आता पूराय जाल्लो असून प्रधानमंत्री अधिकृतपणान तो राष्ट्राक समर्पित करतले. मोदी, मालगाडी सेवांक  तसेच, वडोदरा आणि तांडा रोड मजगती नवीन रेल्वे सेवेकुय पाचवो बावटो दाखयतले. छोटा उदेपूर-धार प्रकल्पाचो भाग म्हणून विकसित केल्या जोबत-तांडा रोड या नवीन रेल्वे मार्गाचे ते लोकार्पण करतले. तशेच प्रधानमंत्री ९ हजार ७०० कोटी रुपयांपरस चड खर्चाच्या तीन रेल्वे प्रकल्पांची आनी सुमार १ हजार ७८० कोटी रुपये खर्चाच्या तीन राष्ट्रीय महामार्ग प्रकल्पांची बुन्याद घालतले. प्रधानमंत्री गुजरात सरकारच्या सुमारे २ हजार ६०० कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालतले तशेच उक्ताणा करतले. महाराष्ट्राच्या मुम्बयत, मोदी  'ग्लोबल फिनटेक फेस्ट' (GFF) २०२६ चे उक्तावण करतले.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी काल गोंय पुलीशेक presidents  Colour पुरस्कार' फाव केलो. लष्करी वा पोलीस पथकाक तांची सेवा, शिस्त आनी उल्लेखनीय कामगिरी खातीर दिल्लो ह्यो सर्वोच्च सन्मान पुरस्कार आसा. ही कार्यावळ ताळगांवा श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमात जाली. हेवेळार सभाघराक संबोधित करताना केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी सांगलें....(byte- Amit Shah on Presidents Colours) प्रेसिडेंट्स पोलीस अवॉर्ड्साक 'राष्ट्रपतीचें चिन्न अशेंय म्हण्टात. हो पुलीस दळाक दिल्लो सगळ्यांत व्हडलो भोवमान आसा. गोंयच्या लोकांकडेन आशिल्ली निश्ठा, शिस्त आनी समर्पीत सेवे खातीर गोंय पुलिसांक हो भोवमान फावो जाला. हे सुवाळ्याक मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाजीर आशिल्ले, गोंय पुलिसांक मेळिल्ल्या ह्या पुरस्काराची तांच्यांनी तोखणाय केली.

प्रेसिडेंट्स कलर्स अवार्ड्स ह्या सुवाळ्यांन cyber fraud खातीर हेल्पलाईन आशिल्ल्या गोंय पुलीशेच्या AI voice assistant यंत्रणेचें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांचें हस्तुकी उक्तावण जालें. ही यंत्रणा इंग्लीश भाशेसयत कोंकणी, मराठी, हींदी आनी 11 भारतीय भाशांनी उपलब्ध आसा अशें मंत्री अमित शाह हांणी सांगलें... (Amit Shah - On 1930 helpline (15)). हेर राज्याच्या तुळेत cyber fraud बाबतीन गोंय पुलीसेची यंत्रणा मुखार आसा अशें म्हणीत घरमंत्री अमित शाहा हांणी सांगलें....(byte- Amit Shah - On Goa Police (28)). गोंय पोलिसांच्या ११२ ह्या आपत्कालीन सेवेच्या प्रतिसादाचो वेळ आता १८ मिनिटां सावन उणो जावन ८ मिनिटां केला अशें अमित शाह हांणी सांगलें आनी हो प्रतिसाद सुसज्ज यंत्रणेसयत प्रत्यक्षांत ६ मिनिटां जावपाची शक्यता आसा, अशेंय तांणी म्हटलां....(byte: Amit Shah - On Police Response Time (32))

अस्तंत विभागीय परिशदेची 28वी बसका काल ताज सिदाद दी गोवा होरायझॉन, पणजी हांगा जाली.

ह्या परीशदेत आंतर-राज्य सहकार, समन्वय आनी प्रादेशीक उदरगतीक चालना दिवपा खातीर अस्तंत विभागांतले मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री, मंत्री आनी ज्येश्ठ अधिकाऱ्यांचो सहभाग आशील्लो. आस्पाव आशिल्लो.

आयज आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दिसा निमतान शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी साक्षरतायेक लागून गिन्यान, संद आनी बऱ्या फुडाराचें दार उक्तें जाता अशे सांगले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री जोशीन नागरिकांनी शिक्षणाची परिवर्तनकारी शक्त मनोवची आनी शिकपाच्या प्रवासांत कोणूच फाटीं उरचो

न्हय हाची खात्री करपाचो उलो मारला. शिकिल्ली आनी सशक्त नागरीकत्व ही विकसित भारताची सगळ्यांत घट बुन्याद अशें तांणी सांगलें.

लोकसभा आणि राज्य विधानसभांमदी बायलां खातीर ३३ टक्के आरक्षणाक लागुन बायलांच्या राजकीय फुडारा खातीर नवीन मार्ग उक्ते जातले अशे लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी म्हळां. आगामी काळात राजकीय, प्रशासकीय आणि सामाजिक क्षेत्रांत बायल फुडाऱ्याची एक नवीन पिळगी उदेतली अशेय बिर्ला यांनी नमूद केले. हरियाणात फरीदाबादांत राष्ट्रीय बायलां आयोगा वतीन आयोजित 'लिंग-संवेदनशील प्रशासन' या विषयावेल्या दोन दिसांच्या 'अखिल भारतीय क्षमता-बांधणी कार्यशाळे'चे उक्तावण करताना ते उलयताले.

इराणान चड पेट्रोल विकतें घेवपी गिरायकां खातीर इंधनाचे दर वाडयल्यात. डिसेंबर उपरांत पेट्रोलाचे दर वाडपाची ही दुसरी खेप. नवे पद्दती प्रमाण म्हयन्याक 110 लिटर परस चड पेट्रोल घेवपी लोकांक आदल्या दराच्या दुप्पट दर म्हळ्यार दर लिटराक एक लाख रियाल फारीक करचे पडटले. इराणाचें चलन दुबळें जावपाक लागलां आनी ताची क्रयशक्ती उणी जायत वता म्हणून हो निर्णय घेतला. तज्ञांच्या म्हणण्या प्रमाण पेट्रोलाचे दर वाडिल्ल्यान चलनवाड जावंक शकता.

फुडल्या पिळगेच्या '6G' नेटवर्कच्या विकासाक दिशा दिवपाच्या उद्देशान सुरू आशिल्या एका आंतरराष्ट्रीय उपक्रमात भारत, अमेरिका आणि हेर २४ देशां वांगडा सामील जाला. अमेरिकेच्या वाणिज्य विभागान सोशल मीडियावेल्या

एका पोस्टात म्हणला की, Gen next नेटवर्क्स ही सामायिक सुरक्षा हितसंबंधांचे प्रतिनिधित्व करपी स्पर्धात्मकता वाडोवपी आणि नाविन्याक चालना दिवपी आसची, हे सुनिश्चित करपाच्या प्रयत्नात भारत, अमेरिका आणि हेर २४ देशांवांगडा सहभागी जाला.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत भारताच्या उत्तर उदेंत वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज बिहार, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, ओडिशा आनी अस्तंत बंगालांतय अशीच हवामानाची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

अहमदाबादात सुरु आशिल्या संवसारीक तिरंदाजी पॅरा खेळा माळेत भारतीय पॅरा तिरंदाज 'घरच्या मैदानार खेळपाच्या फायद्याचो पुरेपूर लाव घेवपाच्या तयारीत असून, आज ते चार भांगरापदकांच्या लढतींत वांटेकार जातले. 'पॅरा रिकर्व्ह महिला पंगड भांगरापदक लढतीत भारताच्या भावना आणि पूजा, चीनच्या लियांग किउरोंग आणि चेन यू आड खेळतली. 'पॅरा रिकर्व्ह दादल्यांच्या पंगड भांगरापदक लढतीत भारताचे हरविंदर सिंग आणि विजय सुंडी हे स्लोव्हाकियाच्या डेव्हिड इव्हान आणि डेनिस इव्हान आड झुजतले..